**<u>उजो पालोवपी दळाचे आयज वर्सुकीं संचलन जाले</u>**

ता. 8 फेब्रुवारी 2020

आयज सांतिनेजच्या अग्निशमन दळ सेवा प्रशिक्षण मैदानाचेर उजो पालोवपी सेवा दळाचे 32वे वर्सुकीं निरिक्षण दीस संचलन जाले. प्रधान सचिव श्री. पुनीत गोयल हे कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हुण हजर आशिल्ले. गृह खात्याचे विशेश सचिव श्री. रवी झा आनी अतिरिक्त सचिव श्री. अमरसेन राणे हे खास निमंत्रीत म्हुण हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना श्री. गोयल हांणी खास करून शिक्षणीक संस्थां आनी ग्रामपंचायत पातळीचेर समाज आपवावूरप्यांमदी उज्याआड सुरक्षा उपाय आनी आपत्तीच्या प्रसंगांवेळार घेवपाच्या उपायांविशी जागृताय करपा खातीर खात्यावतीन करपात येवपी प्रयत्नांचेर समाधान उकतावन उजो पालोवपी सेवा दळाक आधुनिक सुविधां, आवश्यक मनीसबळ आनी यंत्रणां दिवपाक सरकारचे प्राधान्य आसता, अशें सांगले.

अग्निशमन सेवा संचालक श्री. अशोक मेनन हांणी येवकाराच्या भाशणात दळाच्या कार्याचो नियाळ घेतना वाळपय, दिवचल, वास्को हांगा दळाखातीर नवीन इमारती बांदपाचे काम चालू आशिल्ल्याचे सांगले.

ह्या वेळार मानेस्तांच्या हस्तुकीं संचलन आनी खेळां सर्तीतल्या जैतवंतांक इनामां भेटयली.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/121

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA